Panaji national news

27.04.2025…6.30pm

**मन की बात**

हलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या गुन्यांवकारांक  फावो ती जाप दितले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आकाशवाणीचेर  मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना सांगलें. श्री मोदी हांणी ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखेक पहलगामांत jalya आतंकवादी घडणुके विशीं  दुख्ख उक्तायल. हो हल्लो आतंकवादाच्या आश्रयदात्यांची निराशा आनी bhitrepan दाखयता अशें तांणी सांगलें. काश्मीरांत शांतताय परतून येता, लोकशाय घटमूट जायत आसा, पर्यटक विक्रमी प्रमाणांत वाडत आसात हाचेर भारत आनी जम्मू-काश्मीराचे दुस्मान खोशी नात अशें तांणी सांगलें.

---

आतंकवादाच्या ह्या झुजांत देशाचो एकवट आनी 140 कोटी भारतीयांचो एकचार सगळ्यांत व्हडली बळगें आसा, अशें प्रधानमंत्र्यान स्पश्ट केलें. हो एकचार होच देशाच्या आतंकवादाच्या निर्णायक झुजाचो आदार अशें तांणी सांगलें. ह्या आव्हानाक तोंड दिवपाचो संकल्प घटमूट करपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें

दोन दीस आदीं निधन जाल्ल्या डॉ. विज्ञान, शिक्षण आनी भारताच्या अंतरिक्ष कार्यावळीक नवी उंचाय दिवपाक डॉ कस्तूरीरंगन हांणी दिल्लें योगदान सदांच याद उरतलें अशें तांणी सांगलें.

---

एप्रीलांत आर्यभट्ट उपग्रह सुरू जावपाक 50 वर्सां जालीं हें vishi khos uktayli. 50 वर्सांचो हो प्रवास फकत खात्रीन सुरू जालो अशें ताणें पळयलें. तेन्नाच्या तरणाट्या शास्त्रज्ञांक आधुनीक साधनां नाशिल्लीं आनी संवसारीक तंत्रगिन्यानाचीय संद नाशिल्ली अशें श्री मोदी हांणी आयकप्यांक सांगलें. बैलगाडयो आनी सायकलींचेर शास्त्रज्ञ स्वता गंभीर उपकरणां व्हरताले अशें तांणी सांगलें. ह्याच समर्पण आनी राष्ट्राक सेवा दिवपाच्या भावनांचोच परिणाम भारत एक जागतीक अंतरिक्ष शक्त जाला अशें तांणी भर दिलो. भारतान एकाच वेळार 104 उपग्रह प्रक्षेपण करून विक्रम तयार केला असो अभिमान तांणी उक्तायलो.

चंद्राच्या दक्षिण ध्रुवाचेर पावपी भारत पयलो देश जाला अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

तशेंच भारतान मंगळ ऑर्बिटर मिशन सुरू केलां आनी आदित्य-एल 1 मिशनांतल्यान सुर्याक सामके लागीं पावलां अशें तांणी सांगलें. आयज भारत पुराय संवसारांतल्या सगळयांत चड खर्चीक पूण यशस्वी अंतरिक्ष कार्यावळींत फुडाकार घेता. संवसारांतले जायते देश आपल्या उपग्रह आनी अंतरिक्ष मिशनां खातीर इसरोचो आदार घेतात अशें प्रधानमंत्री फुडें सांगलें.

भारतान खाजगी क्षेत्रा खातीरय आपलो अंतरिक्ष क्षेत्र उक्तो केला अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. आयज जायते तरणाटे स्पेस स्टार्टअपाच्या मळार नवे मार्गदर्शक तत्वां साध्य करतात.

धा वर्सां आदीं एकूच कंपनी आशिल्ली, पूण आयज देशांत 325 परस चड स्पेस स्टार्टअप काम करतात अशें श्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें.

फाटल्या म्हयन्यांत म्यानमारांत आयिल्ल्या भूंयकांपा विशीं उलयतना प्रधानमंत्री हांणी

सांगलें, भारतान रोखडीच ऑपरेशन ब्रह्म सुरू केल्या, ताका लागून मदत आनी बचाव कार्यावळींत मजत मेळटली. वायुसेनेच्या विमानां सावन नौदलाच्या जहाजां मेरेन शेजारच्या देशाक मजत करपा खातीर सगळी मजत धाडल्या अशें तांणी सांगलें.

## व्हॉट्सॲप संदेश

भारतीय सैन्याच्या आधुनिकीकरणा खातीर सरकारान बँक खातें उगडलें असो दावो करून वेगवेगळया सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांचेर पातळिल्लो व्हॉट्सॲप संदेश चुकीचो आसा अशें सरकारान आयज सांगलें.

पी आय बी च्या फॅक्ट चेक युनिटान दावो केल्लो संदेश बनावट आसा अशी म्हायती दिल्या. लश्करी कारवाय करतना shayid वा जखमी जाल्ल्या सैनिकांच्या कुटुंबांक बेगोबेग अर्थीक मजत दिवपा खातीर सरकारान सशस्त्र दळांच्या झुजांत अपघात कल्याण निधी (एएफबीसीडब्ल्यूएफ) तयार केला अशें तातूंत म्हणलां.

कस्तूरीरंगन

प्रख्यात अंतरिक्ष शास्त्रज्ञ, इसरोचे आदले अध्यक्ष आनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाचे शिल्पकार डॉ कृष्णस्वामी कस्तूरीरंगन हांचो आयज बेंगळुरूंत पुराय राज्य सन्मानान ताचे निमाणे संस्कार आयज .

डॉ कस्तूरीरंगन फाटल्या शुक्रारा बेंगळुरूंत

आयज रमन संशोधन संस्थेंत

निमाणो मान दिवपा खातीर दवरले. आयज निमाणो श्रद्धांजली दिवपी मानेस्तलोकां मदीं राज्यपाल थावरचंद गहलोत, मुख्यमंत्री सिद्दारमैया आनी इसरोचे अध्यक्ष व्ही नारायणन हांचो आस्पाव आशिल्लो

वर्ल्ड रेकॉर्ड

बिहारांत बौध्द भिक्षूंनी मधुबनी चित्रकला आनी गायन बावल एंसेम्बल सादरीकरणाच्या वेगवेगळया वर्गांत दोन गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्ड मेळयले.

गिनीज वर्ल्ड रेकॉड्सांच्या अधिकाऱ्यांनी आयज पाटलीपुत्र खेळां संकुलांत पाटणांत मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांचे कडेन प्रमाणपत्रां दिली.

मधुबनी चित्रकला संस्थांत नामनेचो कलाकार बौआ देवी आनी हेरांच्या मार्गदर्शनाखाला पद्मश्री जगदंबा देवीक श्रद्धांजली दिवपा खातीर १८.६९ चौखण मिटरांचें व्हड आकाराचें मधुबनी चित्र तयार केलें. दुसर् या पराक्रमांत वेगवेगळया मठांतल्यान आयिल्ले आनी पांच वर्सां ते 70 वर्सां पिरायेच्या 375 भिक्षू काल सांजवेळा बोधगया हांगा एकठांय आयले आनी सिंगिंग बावल एन्सेम्बला खातीर बौध्द भिक्षूंची सगळयांत व्हडली एकठांय येवपाचो संवसारीक विक्रम केलो.

आर्मी

मुंबय सॅपर्साचे आदले व्हायस चीफ ऑफ आर्मी स्टाफ आनी कर्नल कमांडंट लेफ्टनंट जनरल एस

पट्टाभिरामन काल निलगिरी जिल्ह्यांतल्या वेलिंग्टन हांगाच्या लश्करी हॉस्पिटलांत निधन जालो. ताची पिराय 78 वर्सां आशिल्ली.

फाटल्या कांय दिसां सावन ताका स्वास घेवपाक त्रास जाल्ल्यान ताका दाखल केल्लो. ताचे निमाणे संस्कार आयज पुराय लश्करी भोवमानान जाले

IPL T20

IPL T20 च्या आनीक एका मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू हांचे मदीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर खेळ जातलो. आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली. आठ खेळांतल्यान 12 गूण मेळोवन दिल्ली कॅपिटल्स दुसरे सुवातेर आसा आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू 9 खेळांतल्यान 12 गूण मेळोवन तिसरे सुवातेर आसा.